बाळकांगितां

बाळकृष्ण कानोळकार

भेट

25-2-15

बाळकांगितां

बाळकांगितां

बाळकृष्णजी कानोळकार
प्रपाठक
मराठी विभाग, गोंय विश्वविद्यालय.

परा-प्रतिमा प्रकाशन
तुयें, पेडणें - गोंय. ४०३ ५१२

बाळकांगितां
(कविता)
-बाळकृष्णजी कानोळकार

Balkagitam
(Poetry)
Balkrishna G Kanolkar

© कवी

प्रकाशन क्र : १३

पयली उजवाडावणी :
२६ मार्च २००९

प्रकाशन :
परा-प्रतिमा प्रकाशन
तुयें, पेडणें - गोंय, ४०३ ५१२
C/c : 9421156116

मुद्रण :
अनिकेत डॉट कॉम

कवर चित्र :
रुक्मा

वितरण वेवस्था :
अक्षर-आनंद वितरण
फोंडे-गोंय, ४०३ ४०१

कवर डिजायन :
हेमकृष्ण

भितल्लीं चित्रां :
कालिदास म्हामल

मोल : ४० रुपया

गोंयच्या
सर्वय
माणकुल्यां
बाळकांक
मायेमोगान.

गितांवळ....

१	....	२
२	....	४
३	....	६
४	....	८
५	....	१०
६	....	१२
७	....	१६
८	....	१८
९	....	२०
१०	....	२२
११	....	२४
१२	....	२६
१३	....	२८
१४	....	३०
१५	....	३२

बाळकांगितां

: १ :

आयलो पावस आयलो पावस

उप्पाट भल्ल्यो तळयो-बांय

बेब्याबाबा म्हाकाय आतां

तुजेवली पेंवक शिकय

: २ :

आयलो पावस आयलो पावस

गुप्प जालो सगलो देखाय

मोलामामा म्हाकाय आतां

घागल्यां बगल नाचुंक शिकय

: ३ :

आयलो पावस आयलो पावस

माती जाली चिकट - चिकट

मोगाचे भयनुले तूंच म्हाकां

झोपाळो बांदुक शिकय

वयल्या वयल्या दोंगलाल
मोल नातोता
मोलाक पलोंवक
पावश आशेता

वयल्या वयल्या दोंगलाल
सुलया उदेला
नळबाच्या पोलसांत
तोमातो दाला

वयल्या वयल्या नळबांत
तांदोबा आयला
ताचे लांगला खेळुंक
बाबू आशेता

वयल्या वयल्या नळबांत
जायत्यो पली
कोणाक जाय वली ?
कोणाक सुकी ?

एक आशिल्लो सोसो

ताचें नांव पिसो.

दिसतालो कसो ?

कापूस कसो !

कावळ्या कांव,

पाव खावंक धांव.

पाव पल्लो बिलूशीं

कावळो उल्लो उपाशी.

वागाची मावशी
नुस्त्यान जेवशी
अशी गे कशी
तू मनीमावशी?

नुस्त्याचो काटो ,
सांबाळ गे बाये !
ताळ्याक लागत
सोसूं नये.

ताळ्याक लागल्यार
मेमे खाशी कशी ?
उदकांत मात्शी
बुडय मिशी.

जाकलो जोकर
राणीचो नोकर
चोरून खाता
तूप साखर.

तूप खातना
राणीक गावलो
तिणें ताचो
कान पिवलो.

नोकर करता
हाय हूय
बाय करता
कूय कूय.

: ९ :

ओंवळीच्या झाडाखाला
ओंवळा गे गळटा
ओंवळा गे गळटा
ओंवळीच्या झाडाखाला
गंध परमळटा
गंध परमळटा

ओंवळीच्या झाडाखाला
आमी वचुया
आमी वचुया
ओंवळीच्या झाडाखाला
ओंवळां पुंजावया
आमी ओंवळां पुंजावया

ओंवळीच्या झाडाखाला
ओंवळां गुंथुया
आमी ओंवळा गुंथुया
ओंवळांचे वळेसर
माथ्यांत माळुया
आमी माथ्यांत माळुया

: १० :

लायगल, लायगल, योव योव

मोथ्यान कल भ्योव भ्योव

खेतें आयलें , शेव शेव

खावंक दिता फोव फोव

सोबीत सुंदर एक
घर माकां जाय
घराक नाकां दार
जनेलां मात जाय

जनेलां जाय इकरा-बारा
शेंवणीं सोबीत
येवचीं घरा
शेंवण्यां सांगातान
खेळुंक माकां जाय

शेंवण्यां वांगडा हांव खेळतलों
उडुंक उंच शिकतलों
तांच्या आनी सांगातान
जग भोंवडेक वयतलों.

: १२ :

मळबांतले म्हातारेक

भरली एकदां हुडहुडी

आकुळ पिकुळ जांवन ती

सोदत रावली घुडघुडी

घुडघुड घुडघुडी

लागली ना हाताक

ढगांची गोजडी

घेवन चिप्प न्हिदली

भुरगीं आमी मस्ती
मात्शीं अशीं
मात्शीं तशीं
तरीय सगळयांक
दितां खुशी

मस्ती करुया आमी
मस्ती करुया
मौज मौज मज्जा आमी
मस्ती करुया

मौज मौज मौजेचो
मेळ आमचो मौजेचो
खेळ आमचो मौजेचो
मेळ खेळ मौजेचो

: १४ :

बिलुबाय, बिलुबाय,

तुका कितें जाय ?

आयज आमगेल पालू हाल्ला,

गळ्याक कांटो लाय.



एक आशिल्लो मळो
तांतूत इल्लुशें तळें
तळयाचे उदक
सोबीत सुंदर
झिळमिळ झिळमिळ
झिळमिळ झिळमिळ

झिळमिळया उदकार
झिळमिळें कमळ
झिळमिळया कमळार
बसला कोण पळय !

पळय, पळय, पळय भंवर
पळय पळय पळय
भंवर भोंवता सगळी मळय
मळय मळय मळय

मळय बाये मळय
मदें एक तळें
तळयांत फुल्लां
कमळ निळें

निळया निळया कमळाक पळयलां कोणें ?
कमळामदें लीकलीक भांगरा गोणे !
भांगरा गोणे झिळमिळटा
भंवर भोंवतीं मुरगट्टा



आमचीं प्रकाशनां



लोकमान्य टिळक

रवींद्र म्हाडोळकार

टी. बी. कुन्या



स्वाति म्हामल

स्वामी विवेकानंद



मिलिंद म्हामल

परा-प्रतिमा प्रकाशन, पेडणे-गोवा.